**कला आनी संस्कृती भवनात "व्हिज्युअल कॉमिक स्टोरी बुक" चेर कार्यशाळा**

ता. 8 मे 2025

कला आनी संस्कृती संचालनालयान 12 ते 18 मे 2025 मजगती 10 ते 15 वर्सां पिराय गटातल्या भुरग्यां खातीर संस्कृती भवन, पाटो पणजी हांगा “व्हिज्युअल कॉमिक स्टोरी बुक” ह्या विशयाचेर एक विशेश कार्यशाळा आयोजीत केल्या.

भुरग्यांक कथालेखनाची वळख करून दिवप आनी रंगीत चित्रां आनी उतरांचो वापर करून तांच्यो कथा कॉमिक बुकात रूपांतरीत करप ह्या संकल्पने सयत ही कार्यशाळा आयोजीत केल्या. ह्या सात दिसांच्या कार्यशाळेत व्याख्यान, संवाद, कॉमिक पात्रांची रचणूक आनी विकास, कथा तयार करप, रेखाचीत्रां तयार करप, रंगोवप आनी कथा पुस्तक तयार करपाविशीं मार्गदर्शन करतले. कार्यशाळेत सहभागी जावपी भुरग्यांक आवश्यक कला साहित्य आयोजक दितले.

नाव नोंदणी 7 मे सावन सुरू जाल्ली आसून 12 मे 2025 मेरेन कार्यालयीन वेळेत सुरू आसतली. सहभाग शुल्क 100 रूपया आनी नोंदणी अर्जा खातीर 10 रूपया अशें नांवापुरते शुल्क आकारले. पयली येवप्याक पयली प्राधान्य तत्वाचेर फकत 30 भुरग्यांक प्रवेश दितले.

सहभाग अर्ज कला आनी संस्कृती संचालनालय, संस्कृती भवन, पाटो पणजी हांगा कार्यालयीन वेळेत उपलब्ध आसात. चड म्हायती खातीर फोन नं. 08322404630/2404633/600 चेर संपर्क करचो.

म्हा /सप/ / विगां/ 2025/457

--

---

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,
Government of Goa,
Udyog Bhavan, Third Floor,
Near Azad Maidan,
Panaji – Goa.